# वेंचणूक आयोगाच्या प्रस्नोत्तरी सर्तींचो निकाल

ता. 22 नाव्हेंबर 2017
1 मार्गशीष 1939

भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या उत्तर गोंय कार्यालयान 14 ते 17 वर्सां पिराय गटातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांच्या विद्यार्थ्यांखातीर विधानसभा मतदारसंघ पातळीचेर प्रस्नोत्तरी सर्तींचे आयोजन केल्ले. ह्या सर्तींचो पयलो क्रम सचीन पाणीकर, पिपल्स उच्च माध्यमिक, पणजी, दुसरो क्रम प्रार्थवी पी. पाटणेकर, शांतादुर्गा उच्च माध्यमिक, दिवचल, तिसरो क्रम सुरज यू. मळीक, व्ही. आर. गावस मेमोरियल उच्च माध्यमिक, साखळी, चौथो क्रम अश्लेषा नाईक पिपल्स उच्च माध्यमिक, पणजी, पाचवो क्रम इरीक फर्नांडिस, सेंट जोसेफ स्कूल, कळंगूट आनी सवो क्रम नफिस शेख, युनिटी हायस्कूल वाळपय हांणी मेळयला. हे जैतवंत स्पर्धक मुख्य वेंचणूक कार्यालयावतीन आयोजित करपात येतल्या राज्य पातळीवयल्या सर्तींखातीर पात्र थारल्यात.